चीली 200

पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर चिलीचे अध्यक्ष आयज नवी दिल्ली पावले. भारत आनी चिली मदि आयज आपत्ती वेवस्थापन आनी संस्कृतीक आदान-प्रदानांत सहकार्या खातीर कबलातींची आदान-प्रदान जाली तशेंच दोनूय वटांनी अंटार्क्टिकाच्या सहकार्या विशीं आशयपत्रांची देवाणघेवाण जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत चिलीचे अध्यक्ष गॅब्रिएल बोरीक फोंट हांचे कडे चर्चा केली. लॅटीन अमेरिकेंतलो चिली भारताचो म्हत्वाचो इश्ट आनी भागीदार आसा आनी भारताक चिलीकडे अंटार्क्टिकाचे प्रवेशद्वार म्हणून पळयता अशें मोदी हांणी खबराकरांक सांगलें. आयचे चर्चेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी फुडल्या दशकांत सहकार वाडोवपा खातीर जायते नवे उपक्रम राबोवप, परस्पर फायद्याच्या व्यापक अर्थीक भागीदारी कराराचेर चर्चा, मुखेल खनिजांतली भागीदारी घटमूट करप आनी लवचीक पुरवण आनी मोल साखळी स्थापन करपाचे यत्न जातले अशें ताणी सांगले. शेतकी मळार एकामेकांच्या क्षमतांचो उपेग करून अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर दोनूय देश सहकार्य करतले, डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ, नवीकरणीय उर्जा, रेल्वे, अंतरिक्ष आनी हेर क्षेत्रांत चिली कडे आपलो सकारात्मक अणभव सामायिक करपाक भारताची तयारी प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तायली. आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार गंभीर आनी आदरणीय देश जावपाचे गूण चिलींत आसात, जाचो हेत बरो गुंतवणूक आकर्शीत करपाचो आसा अशें चीलीचे अध्यक्ष बोरीक हाणी सांगलें. ही भेट सांस्कृतिक देवाण घेवाणीन आणि 'शूट इन चिली' कार्यक्रमा वरवी भारताच्या शक्तिशाली ऑडिओ व्हिज्युअल उद्योगाक त्यांच्या देशात हाडपाक दोनूय वटानी एकठाय काम करून घडोवन हाडल्या अशे ताणी म्हळे.

Vaishnav 40

केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले की, भारतातली कायदेशीर आणि अनुपालन चौकट सुलभ करपाच्या प्रयत्नांचो एक भाग म्हणून केंद्रान २०१४ पासून १,५०० परस चड पोरने कायदे रद्द केल्यात.

केंद्रीय अन्वेषण ब्युरो (सीबीआय) च्या ६२ व्या स्थापना दिसानिमित्त नवी दिल्लीत २१ व्या डी. पी. कोहली स्मृती व्याख्यानात ते उलयताले

Farmers Shivraj 90

आंतरराष्ट्रीय बाजारात खतांच्यो किमती वाढत आसल्यो तरी, सरकारान शेतकऱ्यांक परवडणाऱ्या किमतीत अनुदानित खतांची पुरवण केल्या  अशे केंद्रीय कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी  सांगले. त्यांनी सांगले की, खत हे कृषी उत्पादनाक आवश्यक घटक आसा आणि सरकारान खताच्या किमती नियंत्रित करपाक उपाययोजना केल्यात. शेतकऱ्यांक युरियाची पिशवी २६६ रुपये प्रति पिशवी दरान दितात.

शेतकऱ्यांचे कल्याण या सरकारच्या डीएनएत आसा अशे मंत्र्यान म्हणले.

Khadse  esports 160

युवा व्यवहार आणि खेळा राज्यमंत्री रक्षा निखिल खडसे हाणी आज नवी दिल्लीत ईस्पोर्ट्स कॉन्क्लेव्ह २०२५ चे उक्तावप केले. त्यांच्या उलोवपात त्यांनी ईस्पोर्ट्स हो एक उदेंते क्षेत्र म्हणून अधोरेखित केला आणि त्याच्या प्रोत्साहनाक  सरकाराची वचनबद्धता परत व्यक्त केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशात एक मजबूत संस्कृती वाढोवपाक समर्पित आसात हाचेर  भर दिलो.

मंत्र्यांनी नमूद केले की ईस्पोर्ट्सच्या जलद वाढीसयत भारताक तंत्रज्ञानाच्या क्षेत्रात लक्षणीय प्रगती करपाची क्षमता आसा. आकाशवाणी न्यूजकडे उलयताना, ताणी म्हणले की अशा कॉन्क्लेव्हाक लागुन खेळा मंत्रालयाक ईस्पोर्ट्साचे वेगवेगळे पैलू समजून घेवपाक मदत जाता.

डिजिटल क्रीडा क्रांतीत भारताक आघाडीर व्हरपाक आणि स्पर्धात्मक गेमिंगाच्या या नवीन युगाचो स्वीकार करपा हे कॉन्क्लेव्ह पूरायपणान तयार आसा.

Growth 70

मूडीज रेटिंग्जा प्रमाण कर उपाययोजना आणि सततच्या आर्थिक सवलतीk लागुन भारताचो ६.५ टक्के विकास दर प्रगत आणि उदेंत्या G-२० देशांमदी सर्वाधिक उरतलो. आज प्रसिद्ध जाल्या अहवालात म्हणला  की, देश भांडवल आकर्षित करत रावतलो आणि खंयच्याय सीमापार  प्रवाहाक तोंड दीतलो. उदेंत्या बाजारपेठांवेल्या त्यांच्या अहवालात, मूडीजान म्हणला की, अमेरिकेच्या धोरणांच्या गोंधळात लागुन उदेंत्या अर्थव्यवस्थांक अडचणींक तोंड दिवचे पडटा.. सगळ्यात वेगान वाढपी

अर्थव्यवस्थांमदलो आर्थिक क्रियाकलाप उच्च पातळीपासून कांयसो मंद जातलो पुण या वरसा आणि फुडल्या वरसा मजबूत उरतलो

Yogi TN

उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी तामिळनाडूसारख्या राज्यात हिंदी भाषेवेल्यान सुरु आशिल्या वादाघेर टीका केल्या. राजकीय फुडारी त्यांच्या संकुचित हितसंबंधा खातीर या वादाक खतपाणी घालतात, अशे त्यांनी म्हळा. अशो चर्चा तरणांटायांच्या रोजगाराच्या संधींर नकारात्मक परिणाम करू शकतात, असे त्यांनी निदर्शनाक हाडले.

Weather

भारतीय हवामान खात्यान आयज सौराष्ट्र आनी कच्छांतल्या कांय सुवातींनी उश्णताय ल्हारयेतली असो अदमास काडला. आसाम, मेघालय,त्रिपुरा आनी गुजरात कांय वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामान आसतले. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां मेरेन वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 2 ते 4 डिग्री सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडपाची शक्यताय आसा. चडांत चड तापमान 36 अंश सेल्सियस सुमाराक उरपाची शक्यताय आसा जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 16 अंश सेल्सियस सुमाराक उरपाची शक्यताय आसा. अंदूं एप्रिल ते जून मेरेन देशांतल्या चडशा वाठारांनी सरासरी परस चड तापमान आसतलें असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान दिला.